# गोंय मुक्तिच्या 60 व्या वर्सानिमतान विद्यार्थ्यांखातीर चित्रकला सर्तीचें आयोजन

ता. 27 ऑक्टोबर 2021

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयावतीन गोंय मुक्तिच्या 60 व्या वर्सानिमतान उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्ह्यातल्या 4 थी ते 9 वी च्या विद्यार्थ्यांखातीर विशय आधारीत पेंटिंग सर्तीचे आयोजन करपात येतले.

राज्य सरकार गोंय मुक्तिचे 60 वे वर्स आनी देशाच्या स्वतंत्रतायेचो अमृत महोत्सव मनयता आनी ह्या निमतान राज्यांत वेगळें वेगळें कार्यक्रम आयोजीत करपा खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालय नोडल खाते म्हूण काम करता. “गोंय मुक्ती चळवळ” असो पेंटिंग सर्तीचो विशय आसा. गोंय मुक्ती चळवळीच्यो घडणूको, व्यक्तिमत्वां, थळां, किल्ले, इतिहासीक स्मारकां, आदी गजालींचो पेंटिंगात आस्पाव आसपाक जाय.

उत्तर गोंयांतल्या विद्यार्थ्यांखातीर ता. 13 नोव्हेंबर 2021 दिसा रवींद्र भवन, साखळी हांगा आनी दक्षीण गोंयांतल्या विद्यार्थ्यांखातीर ता. 18 नोव्हेंबर 2021 दिसा रवींद्र भवन, मडगांव हांगा सर्तीचें आयोजन करपात येतले. दोनीय कडेन सकाळी 9.00 वरांसावन सर्तीक सुरूवात जातली.

दोनीय जिल्ह्यातल्यान प्रत्येकी 12 उत्कृश्ट प्रवेशिकांची निवड करपात येतली आनी प्रत्येकी 3,000/- रूपया, यादस्तिक आनी प्रशस्तीपत्र भेटोवपात येतले. तशेंच सर्तीत वाटो घेवपी सगळयां विद्यार्थ्यांक प्रशस्तीपत्र आनी चित्रकला साहित्य भेटोवपात येतले.

तशेंच “चित्रकला कुशळटाय आनी तंत्र” ह्या विशयाचेर खास व्याख्यान जातले.

चड म्हायती खातीर विद्यार्थी वा पालकांनी श्री. श्याम गांवकार, पालवी म्हायती अधिकारी, म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालय, फोन नं. 9422444624 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/891

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji